# Akashwani Panaji National news 8.40 am 10th March 2026

pm

नारी शक्ती STEM, संशोधन वाढत्या सहभागासयत  देशाच्या विकसित भारताच्या प्रवासाक बळगे दिता अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी  म्हणला. शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हानी सोशल मीडिया पोस्टात बरयल्या लेखाक जाप दिसना प्रधान मंत्यानी भारताची विकासाची काणी बायला विकासा कडच्यान बायलांच्या नेतृत्वाखाला विकासाकडे वळता अशे म्हणले Byte

Pm

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां केरळ आनी तमिळनाडूचा  दौर्यार आसतले . एर्नाकुलमांत प्रकल्पाचे उक्तावण करून, राष्ट्राक समर्पित करतले , आनी बुन्यादि फातर बसयतले.  सुमार 10,800 कोटी रुपयांच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांक ते पांचवो बावतो दाखय्तले.  कार्यावळी वेळार प्रधानमंत्री मोदी सभाघरांत उलोवप  करतले. उपरांत तमिळनाडूंत प्रधानमंत्री तिरुचिरापल्लींत उक्तावण करतले, राष्ट्राक समर्पित करतले आनी सुमार 5,650 कोटी रुपयांच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांची  बुन्याद घालतले. तशेंच हे निमतान ते लोकांक मार्गदर्शन  करतले.

pm

प्रधानमंत्री  नरेंद्र मोदी हांणी राष्ट्रिय स्वतंत्र पक्षाचे अध्यक्ष रबी लामिछाने आनी आरएसपीचे वरिश्ठ फुडारी बलेंद्र शाह हांकां वेंचणुकेंत जैतिवंत जाल्ल्या खातीर आनी नेपाळ वेंचणुकेंत आरएसपीच्या  यशा खातीर परबीं दिली. तांचे कडेन केल्ल्या

दूरध्वनी संवादांत प्रधानमंत्र्यांनी तांच्या नव्या सरकारा खातीर आनी दोनूय देशांच्या परस्पर समृध्दी खातीर, प्रगती खातीर तांचे वांगडा काम करपाची भारताची वचनबद्धताय उक्तायली. संयुक्त यत्नांनी भारत आनी नेपाळ संबंद फुडल्या वर्सांनी नव्या उंचायेर पावतले असो विस्वास प्रधानमंत्र्यानी उक्तायलो.

lpg

एलपीजी उत्पादन चड करपा खातीर आनी अतिरिक्त उत्पादन घरगुती वापरा खातीर तेल शुध्दीकरण केंद्रांक सरकारान आदेश जारी केला. सध्या इंधन पुरवणांत भू-राजनीतीक व्यत्यय आनी एलपीजी पुरवणाचेर अडचणी निर्माण जाल्ल्या.सोशल मिडियाचेर पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयान ,सरकारान घरगुती एलपीजी पुरवणेक प्राधान्य दिलां आनी ब्लॅक मार्केटिंग टाळपा खातीर 25 दिसांचो काळ सुरू केला अशे सांगला . आयात केल्ल्या एलपीजींतल्यान बिगर घरगुती पुरवणेक हॉस्पिटल आनी शिक्षणीक संस्था अशा गरजेच्या बिगर घरगुती क्षेत्रांक प्राधान्य दितात अशें म्हणलां.

jaishankar

अस्तंत आशियांतल्या घडामोडींचेर सरकार बारीकसाणेन नदर दवरता आनी प्रभावी प्रतिसाद मेळचो हे खातीर संबंदीत मंत्रालयां समन्वय करतात अशें विदेश वेव्हार मंत्री dr s जयशंकर हांणी सांगलां. अस्तंत आशियांतल्या परिस्थिती विशीं राज्यसभेंत निवेदन दितना मंत्री जयशंकर हांणी, परिस्थिती पळयल्यार नागरिकांची सुरक्षीततायेची राखण करपा खातीर सरकार वावुरता. ह्या वाठारांत संघर्ष उणो करपाखातीर संवाद आनी मुत्सद्देगिरी वरवीं यत्न चालू दवरपाचे सरकाराचे विचार आसा अशें तांणी सांगलें.

**Jitendra**

**कार्मिक, भौशीक कागाळी आनी निवृत्तीवेतन राज्यमंत्री dr जितेंद्र सिंग आयज नवी दिल्लींत स्वयंसेवी एजन्सीचे स्थायी समितीचे 35वे बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळटले. केंद्र सरकाराच्या निवृत्तीवेतनधारकांचा हिता संबंदीत प्रस्नांचेर उपाय काडपा खातीर निवृत्तीवेतन आनी निवृत्तीवेतनधारक कल्याण खात्यान ही बसका घडोवन हाडल्या.निवृत्तीवेतन आनीनिवृत्तीवेतनधारक कल्याण खात्यान , हे बसकेक लागून धोरणात्मक समन्वय घटमूट करपाक आनी तक्रारी सोडोवपाक मदत जातली, जाका लागून केंद्र सरकाराच्या निवृत्तीवेतनधारकांची जिणेची सोय सुदारतली अशी आस तांणी उक्तायल्या**

**Sebi**

**अस्तंत आशियांतल्या संघर्शाक लागून अर्थीक बाजारांत अस्थिरताय निर्माण जाल्ल्यान सेबीचे अध्यक्ष तुहिन कांता पांडे हांणी गुंतवणूकदारांक शांत रावपाचो उलो मारला. काल सांजवेळार मुंबयंत निफ्टी 50 च्या 30 वर्सांचो उत्सव मनोवपा खातीर जाल्ल्या कार्यावळींत उलोवप करतना पांडे हांणी, भारताचीं घरगुती मुळावीं तत्वां घटमूट उरल्यात आनी अशा अनिश्चितताये मदीं लवचीकपण दितात अशे सांगला . अस्तंत आशियांतल्या झुजाक लागून मुखेल जहाज मार्गांत व्यत्यय आयिल्ल्यान आनी तेल आनी वायू पुरवणेक धक्को निर्माण जाल्ल्यान संवसारीक बाजारांत सध्या अस्थिरताय निर्माण जाल्या अशें सांगून पांडेय हांणी , भारताचेरूय अशा घडणुकांचो खोलायेन परिणाम जाला अशे सांगलें .**

**jaishankar**

**पश्चिम आशियातलो तणाव कमी करपाक  संवाद आणि राजनैतिक मार्ग आपणावक जाय हाचेर विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी भर दिला . पश्चिम आशियातल्या परिस्थितीचेर निवेदन दितना डॉ. जयशंकर हाणी भारत सरकारान फाटल्या महिन्याच्या २० तारखेक परिस्थिती बद्दल  एक निवेदन जारी केले जातुन तानी हुस्को उक्ताय्लो आणि सगळ्या  पक्षांक संयम बाळगुपाचे आवाहन केले . तणाव कमी करपाक संवाद आणि राजनैतिक मार्ग आपणावपाक जाय अशे भारताचे मत आसा, अशे म्हणीले. परिस्थितीची तीव्रता पळयल्यार, नागरिकांची सुरक्षा आणि सुरक्षितता सुनिश्चित करपाक सरकार काम करता अशे जयशंकर उलयले**

**waves**

**भारताचो अर्थवेवस्थेचो क्षेत्र देशाची संस्कृताय, अन्न आनी  थळावी उत्पादनां संवसाराक दाखयता अशें म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलां. काल पोस्ट बजेट वेबिनार - सबका साथ, सबका विकास हातूंत उलयतना तांणी अशें सांगलें. मिडिया मनरिजवणेंत तंत्रगिन्यानाची मुखेल भुमिका आसा हाचेर भर दिलो, वेव्स प्लॅटफॉर्म भारतीय निर्मात्यांक ह्या क्षेत्रांत फुडारपण करपाक मजत करपा खातीर तयार केला अशें उक्तायलें.वेव्हस हें एक संवसारीक मान्यताय मेळिलिल  माची जाल्या , जें धोरण निर्माते आनी उद्देग फुडाऱ्यांक एकठांय हाडून ह्या क्षेत्रांतल्या उदरगतीच्या पद्दतींचेर चर्चा करता अशें तांणी सांगलें.**

**Birla**

**सभापती ओम बिर्ला हांका काडून उडोवपाची मागणी करपी थाराव लोकसभा आयज घेवपाची आसा. ही नोटीस मोहम्मद जावेद, के सुरेश आनी मल्लू रवी हे तीन काँग्रेसीचे वांगडी मांडटले. लोकसभेन हो थाराव घेतलो जाल्यार बिर्ला कार्यवाहीचे अध्यक्षपद सांबाळचे नात आनी ताचे बदला वांगड्या मर्दी बसतले.**

**मजगतीं, राज्यसभा पर्यावरण, रान आनी हवामान बदल मंत्रालयाच्या वावराचेर चर्चा चालू दवरतली. ग्रामीण उदरगत मंत्रालयाच्या वावराचेरूय उच्च सभाघरांत चर्चा सुरू जावपाची आसा.**

**Reddy**

**सायबर गुन्यांव आनी वाडत आशिल्लो धोको हाताळपा खातीर तेलंगणाचो मुख्यमंत्री रेवंत रेड्डी हांणी राज्यांतल्या पुलीस खात्यांत व्यापक सुदारणा करपाचो उलो मारला. काल हैदराबादांत जाल्ल्या तेलंगणा पुलीस रिट्रीट 2026 वेळार ते उलयताले. वरिश्ठ पुलीस अधिकाऱ्यां वांगडा उलोवप करतना तांणी , खात्याक दोन मुखेल आव्हानां आसात ती म्हळ्यार तंत्रीक आव्हानां, जीं साधनां आनी तंत्रज्ञान दिवन सोडोवंक मेळटात आनी अनुकूल आव्हानां, जांकां खोलायेन समजूत आनी रणनिती नियोजनाची गरज आसा. सायबर गुन्यांव, मादक पदार्थ, ह्या सारक्या प्रस्नांचेर पुलीस अधिकाऱ्यांनी सादर केल्ल्या प्रस्तावांची तपासणी**

करपा खातीर आनी कारवाय करपा  उपाय सुचोवपा  खातीर सरकार मुखेल सचीव के रामकृष्णराव हांच्या फुडारपणा खाला उच्च पांवड्यावेली समिती तयार करतले अशें रेड्डी हांणी जाहीर केलें.

**Imd**

भारतीय हवामान खात्यान आयज हिमाचल प्रदेशात  उश्णतायेची  ल्हारा पातळपाचो अदमास उक्तायला .

**FIH**

बायलां हॉकी संवसारीक करंड सर्तींत  क्वालिफायर माचीत  काल सांजवेळा हैदराबादांत जाल्ले दुसरे पूल बी मॅचींत भारताक स्कॉटलंडान 2-2 अशी बरोबरी केली.